Rajashri kamat National 26th Sept 2025 8.40am

संवसारीक आनी अनिश्चितताय आसून लेगीत भारताची वाड उल्लेखनीय आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां.
प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग वरवी बिहारात मुख्यमंत्री महिला रोजगार योजनेचा शुभारंभ करतले.
भारताची गतिमान अर्थव्यवस्था जागतिक स्तरार एक उज्वल स्थान आसा अशे केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी म्हणला
SAFF U-17 चॅम्पियनशिपाच्या उपांत्य फेरयेंत भारतीय अंडर-17 दादल्यांच्या फुटबॉल पंगडान नेपाळाचो 3-0 असो पराभव केलो.

PM UP – 40
संवसारीक आनी अनिश्चितताय आसून लेगीत भारताची वाड उल्लेखनीय आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां. भारतान आत्मनिर्भर जावंक जाय, अशे तांणी म्हळें. सरकार मेक इन इंडियाचेर लक्ष केंद्रीत करता आनी देशांत चिप ते शिप तयार करपाचो हेतू आसा अशे तांणी मुखार म्हळें.
PM Byte chips 19

मोदी 50

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज व्हिडिओ कॉन्फरन्सिंग वरवी बिहारात मुख्यमंत्री महिला रोजगार योजनेचा शुभारंभ करतले. या कार्यक्रमात, ते बिहारातल्या ७५ लाख बायलांच्या बँक खात्यात प्रत्येकी १० हजार रुपये थेट हस्तांतरित करतले. प्रधान मंत्री कार्यालयान एका निवेदनात म्हणला की, बिहार सरकाराचो हो उपक्रम बायलांक आत्मनिर्भर करप आणि स्वयंरोजगार आणि उपजीविकेच्या संधीं वरवी बायलांच्या सक्षमीकरणाक प्रोत्साहन दिवप आसा.

Rajnath – 35

स्वच्छ भारत अभियान' ज्या पद्धतीन क्रांतीच्या रूपात देशांतल्या दरेका मनशा मेरेन पावता ती पद्दत अजापीत करपी आसा अशे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हणला नवी दिल्लींत

लश्करी मुख्यालयांत ‘स्वच्छता ही सेवा’ मोहिमे खाला नितळसाण कामगारांचो भोवमान करताना ते  उलयताले
Byte 22

शहा 110
केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी म्हणला की केंद्र सरकारचो 'मेक इन इंडिया २.०' उपक्रम फुडल्या २५ वर्षांत जागतिक अर्थव्यवस्थेचो एक व्हड भाग आशिल्या उदेत्या क्षेत्रांर लक्ष केंद्रित करतलो.मुंबईत जाल्या पुरस्कार सुवाळयात उलयताना शहा म्हणाले की, भारताची गतिमान अर्थव्यवस्था जागतिक स्तरार एक उज्ज्वल स्थान आसा. मजबूत आर्थिक कामगिरी, राजकीय स्थिरता हे अर्थव्यवस्थेचे प्रमुख आधारस्तंभ आसात आणि दीर्घकालीन सुधारणांसयत भारत जागतिक स्तरार तेजस्वीपणान चमकता. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी भ्रष्टाचार आणि पारदर्शकतेच्या उणावान ग्रासलेल्या बँकिंग क्षेत्रात सुधारणा सुरू केल्या. फाटल्या १० वरसात गरिबांक बँकिंग सुविधा उपलब्ध करून दिवपाक एकूण ५३ कोटी बँक खाती उघडल्यात. सरकारान नॉन-परफॉर्मिंग ॲसेट्स (एनपीए) संबंधी डेटामदी पारदर्शकता हाडली अशे ताणी म्हणाले. मजगती अमित शाह आयज कोलकाता शारांत तीन दुर्गा पुजा मंडपाचें उक्तावण करतले.

ardeep Hydrogen – 40
ग्रीन हायड्रोजन हे फुडाराचें इंधन. भारतान अपेक्षा परस स वर्सां आदीं 20 टक्के जैव इंधन मिश्रण करपाचें ध्येय साध्य केलां, अशे पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी. ते नवी दिल्लींत जाल्ल्या संवसारीक हायड्रोजन भारत शिखर सभेंत उलयताना सांगलें. Byte 27

रिझर्व्ह 80
रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियान नवीन मार्गदर्शक तत्त्वांसयत डिजिटल पेमेंट सुरक्षा वाडयल्या भारतीय रिझर्व्ह बँक (RBI) न डिजिटल पेमेंट व्यवहारांखातीर प्रमाणीकरण करपाक नवीन मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्या जी १ एप्रिल २०२६ सावन लागू जातली. फ्रेमवर्कमदी सगळया डिजिटल पेमेंट खातीर द्वि-घटक प्रमाणीकरण अनिवार्य केला  जरी कसलीच विशिष्ट पद्धत लागू करूंक ना. केंद्रीय बँकेने म्हणला की डिजिटल पेमेंटात कार्ड-प्रेझेंट व्यवहार वगळुन पासवर्ड, OTP वा फिंगरप्रिंट सारको किमान एक बदलपी पुरावो वापरप आवश्यक आसा.

RBI न जोखीम-आधारित तपासणी, इंटरऑपरेबिलिटी आणि जारीकर्त्यांच्या जापसालदारकेचेर लेगीत भर दिला.

जय शंकर 50

आतंकवादा आड झुजपी लोक आंतरराश्ट्रीय समुदायाची  सेवा करतात अशें परराश्ट्र मंत्री एस. जय शंकर हाणी न्यूयॉर्कांत जाल्ले जी-20 परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसकेंत ऑपरेशन सिंदूराचो मुददो मांडून आतंकवाद हो  उदरगत आनी शांततायेक धोको अशें वर्णन केलें. आतंकवाद्यां मदले व्यापक नेटवर्किंग आणि त्यांच्याविरुद्ध कारवाय  करपी प्रत्यक्षात संपूर्ण आंतरराष्ट्रीय समुदायाची व्हड  सेवा करतात अशें तांणी सांगलें.

रिपोर्ट 20

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारतात सरक्षन क्षेत्रात कशी प्रगती केल्या हेविशी आमच्या खबरा विभागान सादर केलो हो खासा रिपोर्ट derfence innovation

सोनोवाल 50

राष्ट्रीय हायड्रोजन मिशनांतल्यान शून्य कार्बन उत्सर्जन साध्य करपाक आनी हरित उर्जेचेर चड भर दिवपाक सरकार कटिबद्ध आसा अशें केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी सांगलां.मंत्र्यान जवाहरलाल नेहरू बंदर प्राधिकरणांत इलेक्ट्रीक ट्रकांच्या नव्या ताफ्याक पाचवो बावटो दाखयलो, जें हरित येरादारी आनी शाश्वत  बंदर वापरा खातीर म्हत्वाचें पावल आसा.

जीएसटी 90

The next-generation GST सुदारणां भारताची अप्रत्यक्ष कर वेवस्था सोंपी करपाचे दिकेन म्हत्वाचें पावल. आतां ह्या म्हयन्याच्या 22 तारखे सावन लागू जावपी जीएसटी सुदारणांचो लोकांक लाव मेळूं येता. माल आनी सेवा कर मंडळान अप्रत्यक्ष कर वेवस्थेंत व्हड सुदारणा करपाक मान्यताय दिल्या. आदीं 5, 12, 18 आनी 28 टक्के अशी चार थरांची रचणूक आतां सोंपी करून 5 आनी 18 टक्के दोन थरांची चौकटी तयार केल्या. तंबाखू आनी लक्झरी वस्तू सारकिल्या वेंचून काडिल्ल्या वस्तूं खातीर 40 टक्के अतिरिक्त स्लॅब सुरू केला. हाचो हेतू सामान्य मनीस, कामगार प्रधान उद्देग, शेतकार, शेतकी, भलायकी आनी अर्थवेवस्थेच्या हेर मुखेल चालकांक फायदो जावप आसा.

कळोवनी 30

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर, कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे समपर्क साधचो.

स्पोर्ट्स 80

श्रीलंकेच्या कोलंबो शारांत जाल्ल्या SAFF U-17 चॅम्पियनशिपाच्या उपांत्य फेरयेंत भारतीय अंडर-17 दादल्यांच्या फुटबॉल पंगडान नेपाळाचो 3-0 असो पराभव केलो.

Imd 40

दर्यादेग आंध्र प्रदेश, ओडिशा आनी तेलंगना हांगा व्हड ते सामको दडकानी पावसा खातीर भारतीय हवामान खात्यान ऑरेंज अलर्ट जारी केला. आज छत्तीसगढ, कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय, लक्षद्वीप, महाराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा डकानी पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.